PANAJI प्रादेशिक खबरो 7;25 AM 01.09.2026 RAJASHRI KAMAT

रश्मी

गोय विधानसभेच्या पावसाळी अधिवेशनांच्या पयल्याच दीसा सरकारान स विधेयकां फाटी घेवपाचो निर्णय घेतला. ह्या विधेयकांत २०१७ ते २०२५ ह्या काळांत मांडिल्ल्या वेगवेगळया कायद्यांकडे संबंदीत विधेयकांचो आस्पाव आसा. राश्टपतीची मंजुरी मेळुंक नाशिल्ल्यान ही विधेयका सरकारान फाटी घेतल्यात.

हांतुन

1. गोवा रिक्किझिशन अँड ॲक्किझिशन ऑफ प्रॉपर्टी बिल, 2017,
2. नोंदणी (गोवा दुरुस्ती) विधेयक, २०२२
3. गोवा महामार्ग कायदो (पुनःप्रवर्तन, दुरुस्ती आनी वैधता) विधेयक, २०२३
4. भारतीय नागरिक सुरक्षा संहिता (गोवा दुरुस्ती) विधेयक, २०२४
5. रोजगार देवाण-घेवाण (रिक्त जागांची सक्तीची अधिसूचना) (गोवा दुरुस्ती) विधेयक, २०२५
6. कारखाने (गोवा दुरुस्ती) विधेयक, २०२५

ह्या विधेयकांचो आसपाव आसा.
हे शिवाय आयज 14 विधेयका सभाघरात मांडली,जाल्यार धर्मांतर प्रतिबंधक विधेयक २०२६ हें विधेयक ह्या अधिवेशनांत मांडपाचो प्रस्ताव सरकारान सभाघराच्या कांय वांगड्याकडल्यान विरोध जाल्या फाटी घेतला.

गणेश

एखाद्या खटल्या विशीं बाजू मांडटना वकीलाच्या जीविताक धोको आसलो जाल्यार ताका पुलीस संरक्षण मेळटलें. वकीलाक मारपेट जाली जाल्यार 7 वर्सांच्या बंदखणी सयत 1 लाखा मेरेन दंडाची तजवीज आशिल्लें गोंय वकील सुरक्षा विधेयक सभाघरांत सादर जालां. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हे विधेयक सभाघरांत सादर केले.

गणेश

मालमत्ता वा  जमनीच्या नोंदणी खातीर संबंदितांच्या दोनूय हातांचे फिंगर प्रिंटस आनी फोटू डिजिटल स्वरुपांत अपलोड करप आता बंधनकारक जातलें. मालमत्ता नोंदणी डिजिटल स्वरुपांत करपाची कार्यवाही सुरू जाल्या. हाचे खातीर कायद्यांत फावो ते बदल करपा खातीर विधेयक सादर जालां.

ऑनलायन नोंदणी वेळार कागदपत्रां स्कॅन करून ती लोड करतात. हीं कागदपत्रां लोड करतना संबंदितांच्या दोनूय हातांचे फिंगर प्रिंटस तशेंच फोटू डिजिटल स्वरुपांत लोड करचे पडटले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हें विधेयक सभाघरांत सादर केलें.

RASHMI

नेपाळ हुंवारात मरण आयिल्ल्याक गोंय विधानसभेच्या सभासदानी आर्गा ओपली. गोंयांतुय नेपाळचे नागरीक कामा निमतान राबीतो करतात, खास करुन लोजिस्टीक,  सेक्युरीटी तशेंच हेर  मळार नेपाळचे नागरीक काम करतात. शेजारी राज्य म्हण गोंय विधानसभा  नेपाळच्या ह्या दुख्खांत वाटेकार आसात अशे गोंय विधानसभेचे सभापती गणेश गांवकार  हांणी म्हणला.

Rashmi

गोंय  उद्देगिक  वसणुकेच्या  भुखंड  वाटपात  भ्रश्टाचार  आसा  असो  आरोप  फार्तोडाचे आमदार  विजय सरदेसाय हांणी सभाघरात शुन्य वरावेळार केलो. आयडीसीन उद्देगांक  उर्बा दिवपाखातीर जी सुसुटीतपणाची प्रक्रिया चालीक लायली , ताका लागुन सराकराक ६१ कोटी रुपयाचे लुकसाण जाला असो आरोप  विजय सरेदसाय हांणी केला.

उद्देगीक  मंत्री मविन गुदिन्हो हांणी हे  आरोप  न्हंयकारले

महेश

चालू अर्थीक वर्सा खातीर 3,700 कोटी रुपयांची रिणाची मर्यादा आसून लेगीत गोंय सरकारान 31 ऑगस्ट 2026 मेरेन open market तल्यान एकूय रुपया रीण घेवंक ना, हाचे वयल्यान गोंय सरकाराचे घटमूट येणावळ स्तोत्र आनी रिणाचें वेवस्थापन दिसून येता. अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दील्या

महेश

समग्र शिक्षण अभियाना वरवी 10 वर्सां पुराय केल्ले शिक्षक आनी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करपाक राज्य मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या आनी ऑक्टोबर मेरेन ही प्रक्रिया पुराय जातली अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सभाघरात सांगलें.

स्पोर्ट्स

झेक प्रजासत्ताक जाल्ले डब्ल्यूटीटी फीडर ओलोमोक सर्तींत भारतीय टेबल टेनिस खेळगडो अंकुर भट्टाचार्जीन पयलें डब्ल्यूटीटी दादल्यांच्या एकेडी सर्तींत जैत मेळयलें.

हवामान

पणजी वेदशाळेन दिल्ल्या अदमासाप्रमाण फुडले पांच दिस राज्यांतल्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांत हलक्या ते मध्यम प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.